**सगळ्यां मागणी क्षेत्राक 2050 मेरेन शंभर टक्के पुर्नवापर आदारीत वीज पुरवण - मुख्यमंत्री**

ता. 28 जुलय 2023

सगळ्यां मागणी क्षेत्राक 2050 मेरेन शंभर टक्के पुर्नवापर (Renewable) आदारीत वीज पुरवण करपाचो निर्णय राज्य सरकारान घेतला, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजी शारांत आयोजीत “गोंयच्या उद्देगांखातीर शाश्वत ऊर्जा आनी पर्यावरणीय उपाय” ह्या विशयावयल्या दोन दिसाच्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगलें.

संयुक्त राष्ट्र उद्देग विकास संघटना, केंद्रीय सुक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्रालय, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, गोंय ऊर्जा विकास संस्था आनी जागतिक पर्यावरणीय सुविधा हांच्या जोड पालवान ह्या कार्यशाळेचे आयोजन केला.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, राज्यांत पुर्नवापर ऊर्जा आनी ऊर्जा कार्यक्षमता येवजण सुरू करून पर्यटन, येरादारी, भलायकी, उद्देग, कृशी, अन्न प्रक्रिया उद्देग अशा क्षेत्रांत अंमलबजावणी करपात येतली. तशेंच सरकारान उद्देगांखातीर हायड्रोजन धोरण आनी जिरो एमिशन धोरण तयार करपाचे काम सुरू केला, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान उद्देजकांक कार्यशाळेत संयुक्त राष्ट्र उद्देग विकास संघटने वतीन ऊर्जा कार्यक्षमता तंत्रज्ञाना बाबतीत करपात येवपी शिफारसींची अंमलबजावणी करपाक सांगलें आनी हरीत ऊर्जा अर्थवेवस्थेखातीर सगळी आवश्यक मदत करपाचे उतर दिले.

पर्यावरण आनी हवामान बदल मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी सांगलें, हवामान बदलाक लागून राज्य, देश आनी संवसारातल्या अर्थवेवस्थेचेर परिणाम जाता. हवामान बदलाक लागून ह्या वर्सा गोंयांत पावसाक उशीर जालो. उद्देगांच्या सहकार्यान गोंयांत जिरो एमिशनाचे उद्दीश्ट 2050 वर्साच्या पयली साध्य जातले, अशेंय तांणी सांगलें.

संयुक्त राष्ट्र उद्देग विकास संघटनेचे प्रमुख डॉ. रेने व्हॅन बरकेल हांणी आपल्या म्हत्वाच्या उलोवपात युनीडो ही संयुक्त राष्ट्राची म्हत्वाची संघटना आशिल्ल्याचें सांगून संघटनेचे वांगडी आशिल्ल्या विकसीत देशांक उद्देगीक विकास, गरीबी निर्मुलन, जागतिक वेपार आनी पर्यावरणीय शाश्वतताय अशां मळार मदत करपात येता, अशें सांगलें. तशेंच संघटना सुक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक प्रशिक्षण, कुशळटाय, तांत्रिकी मदत, इनोव्हेशन आनी उत्पादकता क्षेत्रात मदत करता, अशेंय तांणी सांगलें.

केंद्रीय सुक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयाच्या जीए-टीपी विभागाचे संचालक श्री. विनम्र मिश्रा, गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. महेश पाटील हांचेय ह्या वेळार भाशण जाले.
गोंय जैवविविधताय मंडळाच्या हवामान विभाग प्रमुख डॉ. मिशेल फर्नांडिस हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो आनी निमाणे गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्यो शास्त्रज्ञ लिविया डिसिल्वा हांणी उपकार मानले. म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/594

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.